# मुख्यमंत्र्यांकडल्यान गोंय क्रांती दिसाची परबीं

ता. 17 जून 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात गोंय क्रांती दिसाक खास म्हत्व आसा. 18 जून 1946 दिसा गोंयकारांनी पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड उकतेपणी बंड सुरू केलो. ह्याच दिसा राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियो मिनेझिस हांणी आपल्या निर्भय भाशणातल्यान गोंयच्या लोकांक पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड लडपाचो उलो मारलो. मडगांवच्या आताच्या लोहिया मैदाना वयल्यान तांणी आपल्या भाशणातल्यान मारिल्ल्या उल्यान गोंयकारांच्या काळजात गोंय मुक्तिखातीर झगडपाची कीट पेटली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय पोर्तुगीज राजवटीतल्यान मुक्त जालें.

गोंय मुक्ती चळवळीत हजारांनी गोंयकारांनी आपखोशेन वाटो घेतलो. तांकां व्हड त्याग करचो पडलो आनी अनेक कश्ट भोगचे पडले. गोंय मुक्तिखातीर अनेक सुटके झुजारी हुतात्मे जाले. आयच्या ह्या प्रसंगार गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळ्यां हुतात्म्यांचो आनी स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां आमी नमन करूया. तशेंच व्हडा कश्टांनी मेळयिल्ले स्वातंत्र्य सांबाळून दवरपाक आनी राज्यांत शांतीकाय राखून उदरगतीची नवी तेंगशी गाठपा खातीर स्वता समर्पित जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात निमाणे म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/426

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.